**आकाशवाणी पणजीच्या**

**प्रादेशिक खाब्रो**

**मुखेल खब्रो**

- **आत्मनिर्भर भारत 2047 तशेच विकसित गोंय 2037 साकार करपा खातीर सगळ्यानी एकठाय येवन वावर करपाची गरज मानादिक राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हाणी उक्तायली**
- **वर्स2037 मेरेन विकसीत गोंय करपाच्या सरकाराच्या यत्नांक लोकांनी आदार दिवचो असो उलो भौशीक बांधकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हांणी मारलो**
- **आमी देशाच्या संविधानाप्रती समर्पित जावन आमकां संविधानान दिल्ल्या अधिकारंचो जापसालदारकीन उपेग करपाचो उलो पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी मारलो.**
- **आमचो इतिहास युवा पिळगेक कळपा खातीर नाणूस किल्लो आनी राणे बंडाच्या स्मारकाचे जतन करपाक जायअशे  आमदार डॉ. देविया राणे  हांणी म्हणला**

आत्मनिर्भर भारत 2047 तशेच विकसित गोंय 2037 साकार करपा खातीर सगळ्यानी एकठाय येवन सर्व समावेशक रीतीन वावर करपाची गरज मानादिक राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हाणी उक्तायली. गोंय विद्यापीठ मैदानाचेर जाल्ले प्रजासत्ताक दिसाच्या सुवाळ्याक ते उलयताले.

राज्यात आयज सगळी शारा तशेच शिक्षण संस्थानी प्रजासत्ताक दिस मानयलो. गोंय विद्यापीठ मैदानाचेर मुखेल कार्यावळ जाली. राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हाणी परेडीची पळोवणी करून मानवंदनेचो स्वीकार केलो. उपरान ताणी उपस्थितांक मार्गदर्शन केले. केंद्र आनी राज्य सरकारच्या तरेकवार येवजणेक लागून राज्याचो हॅप्पीनेस इंडेक्स वाडत आसा. घराचे सपन साकार करपा खातीर सरकारान म्हजे घर येवजण चालीक लायल्या. राज्यांत मुळाव्या सुविधामदली गुंतवणूक वाडत आसताना नवनिर्मिती आनी सेवा वाठारात गोंय हे देशातले एक आघाडीचे राज्य जावन आसा. राज्याच्या उदरगती खातीर दर ऐकल्याच्या हातभारा सयत सहकार्याची गरज महामहीम राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हाणी उक्तायली. भारत देशांच्या उदरगतीत देशवासियांनी तेको दिव्पासयत देशाच्य उबारणींत सहभाग घेवचो तशेंच  समानता, शाश्वत उदरगत आनी भौशिक मळ तशेचं  सर्वसामान्यांचे उदरगतीखातीर काम करपी संस्थांक घटमुट करुन फुडे वचे अशे आवाहन राज्यपालानी केले   परीवर्तन काळात पावला मारतना देश अर्थिक, समाजिक , तंत्रगिन्यान,खेला मळ  पर्यटन तशेचं संस्ककृतायेचे गिरेस्त दायज तिगोवन आसा हे विंशी राज्यपालान खोस उक्तायल्या.
हे वेळार उत्कृष्ट सेवा दिवपी पुलीस आनी अधिकाऱ्यांचो भोवमान जालो.

2037 मेरेन विकसीत गोंय करपाच्या सरकाराच्या यत्नांक लोकांनी आदार दिवचो असो उलो भौशीक बांधकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हांणी मारलो . आयज दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी कार्यालय वाठारांत जाल्ल्या प्रजासत्ताक दिसाच्या कार्यावाळीत ताणी राश्ट्रीय तिरांगो उबारलो. ह्या वेळार उलयताना मंत्री कामत हाणी गोयांत उबे रावतल्या शिक्षणीक संस्था आणि कल्याणकारी प्रकल्पांचेर लोकांनी विरोध उक्तावचो न्हय अशें आवाहन करीत , आंतरराष्ट्रीय पांवड्यावेल्या शिक्षणीक संस्थांक परवानगी दिल्यार गोंयांत फुडल्या पिळग्यां खातीर उच्च दर्जाची शिक्षणीक मुळावी बांदावळ बांदपाक मेळटली आनी ताचो लाव आमच्या विद्यार्थी समाजाक फायदो जातलो. अशे तरेन लोकांनी अशा शिक्षणीक प्रकल्पांचें म्हत्व समजून घेवचें आनी कल्याणकारी प्रकल्पांक आपलो आदार वाडोवचो जाका लागून गोंयचो विकसीत - 2037 चो हेत साध्य जातलो अशें ताणी सांगले.

हालींच सुरू केल्ली म्हजे घर येवजण लोकांक घरांचे कायदेशीर हक्क दिवपाक खूब फायदेशीर थारली अशें तांणी सांगलें. मुख्यमंत्री रोजगर येवजणे वरवीं राज्यांतल्या तरणाट्या उद्देजकांक सरकाराक आदार दिता राज्यांतल्या पर्पल फेस्टाच्या यशस्वी आयोजनान दिव्यांग व्यक्तींक आपली कुशळटाय आनी अफाट प्रतिभा दाखोवपाक समावेशक मंच मेळ्ळा. हालींच मडगाव शारांत जाल्ल्या बुलबुल बाल चित्रपट महोत्सवान भुरग्यांची सृजनशीलता आनी सांस्कृतीक मुल्यां विशीं व्हड जागृताय केली अशें ताणी सांगले .मंत्री कामत हाणी राज्यांत तिसरो

मजगती कुशावती जिल्हयातलो सुवाळो केपेच्या खेळा प्रकल्पात जालो. कुडचडेचे आमदार निलेश काब्राल हांचे हस्तुकी राश्ट्रीय तिरांगो उबारलो .

म्हापसात जाल्या प्रजासत्ताक दीस कार्यावळीत पर्यटन मंत्री श्री. रोहन खंवटे हांणी राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयलो. आमी देशाच्या संविधानाप्रती समर्पित जावन आमकां संविधानान दिल्ल्या अधिकारंचो जापसालदारकीन उपेग करपाचो आनी देशाक आत्मनिर्भर करपा खातीर स्वता निर्धार करपाचो उलो ताणी लोकांक मारलो. गोंय राज्यान स्वयंपूर्ण जावपा दिकेन नेटान मुखार सरता आनी गोंय सरकार उदर्गतीच्या मळार नेटान पावलां मारता.पर्यटन हो गोंयच्या अर्थवेवस्थेक उर्बा दिवपी म्हत्वाचो वेवसाय आसून ह्या मळार जायत्यो दर्जेदार साधनसुविधां निर्माण करून राज्यांत भेट दिवपी पर्यटकांक बरी सेवा दिवपाचो तशेंच युवकांक ह्या क्षेत्रांत रोजगाराच्यो संदी उपलब्ध करून दिवपाक सरकार यत्न करता, अशें तांणी सांगलें. ह्या वेळार कला, संगीत आनी हेर क्षेत्रांत योगदान दिल्ल्यांचो सत्कार केलो.

इतले मजगती राज्यातल्या शिक्षण संस्था सयत सगळ्या वाठारानी प्रजासत्ताक दिसाच्यो कार्यावळी जाल्यो.

देशाच्या विकासा खातीर लोकप्रतिनिधी, प्रशासन आनी नागरिकांनी एकवटान यत्न करपाचे, तशेंच खास करून गोंयच्या युवकांनी गोंय राज्याच्या सर्वांगी उदरगती खातीर योगदान दिवन गोंयाक आदर्श राज्यकरपाकतेकोदिवपाचोउलो, उदकास्त्रोत मंत्री श्री सुभाष शिरोडकर हांणी मारलो.फोंडेच्या क्रांती मैदानार

आयोजीत केल्या प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात ते उलयतले . क्रांती मैदानावयल्या शहीद स्मारकाचेर ताणी फुलांनी हुतात्म्यांक आर्गां ओपली. उपरांत राष्ट्रीय तिरंगो हुबोवन मानवंदना दिली आनी संचलनाची पळोवणी केली. भुरग्यांमदी देशभक्तीची भावना रूजोवपाची गरज ताणी उक्तायली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भारतदेश आत्मनिर्भरतायेच्या दिकेन मुखार सरता अशें सांगून देशान शिक्षण, शेती, उद्देग, तंत्रज्ञान, अंतराळ संशोधन आनी हेर मळार केल्ल्या उदरगतीचेर उजवाड घालो. तशेंच तांणी गोंय राज्याक स्वयंपूर्ण करपा खातीर गोंय सरकारान जायतेउपक्रम चलीक लायील्ल्याचे सांगलें. गोंयचो सांस्कृत‍ीक वारसो, सैमीक संसाधनां आनी पर्यटन क्षेत्र राज्याच्या विकासा खातीर म्हत्वाचे आशिल्ल्याचें सांगून गोंयचे सांस्कृतीक दायज आनी सैम सांबाळून दवरपाची गरज तांणी उक्तायली.

सत्तरीतल्य नाणूस किल्ल्याचेर आयज घरखात्यान आयोजीत केल्ल्या

कार्यावालीत आमदार डॉ. देविया राणे हांणी राणे बंडाच्या स्मारकाचेर फुलांनी आर्गां ओपली.1852 वर्सा पोर्तुगिज सत्तेआड बंड सुरू जाल्ल आनी 26 जानोवारी 1852 दिसा किल्लो ताब्यात घेतिल्लो . आयज आमी आमच्या भारत देशाचो प्रजासत्ताक दीस मनयतना गोंयच्या मुक्ती खातीर त्याग आनी बलीदान दिल्ल्या दिपाजी राणे सरकील्ल्या सुतके झुजर्यांचो उगडास करपाक जाय. आमचो इतिहास दरेक नागरिकाक आनी खास करून युवा पिळगेक कळपा खातीर नाणूस किल्लो आनी राणे बंडाच्या स्मारकाचे जतन करपाक जाय,अशे डॉ. देविया राणे हांणी सांगलें,

पद्मिनी फाउंडेशन साखळी आनी रवींद्र भवन साखळी यांच्या जोडपालवान नादब्रह्म ही सलग तीस तास चलपी अभंग ,नाट्यगीत आणि भावगीतांची कार्यवळ आज सुरु जाली. सलग तीस तास चलपी हे संगीतमय कार्यवळीत 200 कलाकार 360 पदां सादर करतले.आज 26 जानेवारीक सकाळी 11 वरांचेर कार्यवळ सरु जाली.फाल्या सांजवेळ 6वरांचेर कार्यवळ सोपतली.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान 33औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २१.6 औंश सेल्सिअस नोंद जाला. तशेच मुरगावात चडात चड तापमान३2.4 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २१.4 औंश सेल्सिअस नोंद जाला . तशेच राज्यात हवामान सुके आसतले अशे वेधशाळेन म्हणला

श्री गणेश कल्चरल आणि खेळा संस्था मये तसेच व गोंय सरकारचे युवा आणि खेळा व्यवहार खाते हांचे जोडपालवान मयेतर बालकिडा मेळावो संपन्न जालो. मये मतदारसंघाचे आमदार प्रेमेंद्र शेट हांच्या पुढारपणाखाला हो मेळावो जालो. या मेळाव्याक राज्यसभा खासदार सदानंद शेठ तानावडे मुखेल सोयरे तर मानाचे सोयरे म्हुण कुंभारजुवे मतदारसंघाचे आमदार राजेश फळदेसाय हजर आशीले. मानेस्थानचे हस्तुकी मेळाव्यातल्या जैतिवंत खेळाडूंक पुरस्कार भेटयले.

आता परतून एक फावत काय मुखेल खबरो

आत्मनिर्भर भारत 2047 तशेच विकसित गोंय 2037 साकार करपा खातीर सगळ्यानी एकठाय येवन वावर करपाची गरज मानादिक राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हाणी उक्तायली

वर्स2037 मेरेन विकसीत गोंय करपाच्या सरकाराच्या यत्नांक लोकांनी आदार दिवचो असो उलो भौशीक बांधकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हांणी मारलो

आमी देशाच्या संविधानाप्रती समर्पित जावन आमकां संविधानान दिल्ल्या अधिकारंचो जापसालदारकीन उपेग करपाचो असो उलो पर्यटन मंत्री

रोहन खंवटे हांणी मारलो.

आमचो इतिहास युवा पिळगेक कळपा खातीर नाणूस किल्लो आनी राणे बंडाच्या स्मारकाचे जतन करपाक जाय अशे  आमदार डॉ. देविया राणे हांणी म्हणला

इत्ल्यान हयो   खाब्रो सोपल्यो आमचे फुडले  खब्रापत्र तुमका आईकुपाक मेलतले फाल्या सकाळी 7 जावव 25 मिनिताचेर